Panaji national 05.05.2026 at 8.40 am

- अस्तंत बंगाल आनी तमिळनाडूंतल्या विधानसभा वेंचणुकांनी दोन पावड्याचेर इतिहास घडयला
- भारताची विज्ञान आणि तंत्रज्ञान परिसंस्था येत्या काय वर्षांत देशाच्या आर्थिक विकासाक आणि जागतिक फुडाराक आकार दिवपाक निर्णायक भूमिका निभायतले अशे विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हानी म्हणला
- परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर यांनी आपली जमैकाची समपदस्थ कामिना जॉन्सन स्मिथ आनी त्या देशांतल्या हेर मंत्रीमंडळ वांगड्या वांगडा बसका घेतली
- आयपीएल क्रिकेटांत आयज दिल्ली कॅपिटल्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स हांचे मदली मॅच सांजवेळा 7:30 वरांचेर जातली.

ELECTION

अस्तंत बंगाल आनी तमिळनाडूंतल्या विधानसभा वेंचणुकांनी दोन पावड्याचेर इतिहास घडयला. अस्तंत बंगालांत भारतीय जनता पक्षाk पयलेच खेपे व्हड जनादेश मेळ्ळां जाल्यार नव्यान प्रवेश केल्ल्या तमिळनाडू पक्षान तमिळनाडूंतलो सगळ्यांत व्हडलो पक्ष म्हूण आपलो प्रभाव सिद्ध केला. मजगतीं, हेर विधानसभा वेंचणुकांनी आसाम आनी पुडुचेरीच्या लोकांनी आपले सध्याचे सरकार परतून वेंचून काडल, जाल्यार केरळांत लोकांनी नवे राजवटीचो पर्याय घेतला. अस्तंत बंगालांत भाजपान 206 जागे मेळोवन दोन तृतियांशा परस चड विधानसभा बहुमत जिखून टीएमसीchi 15 वर्सांchi सत्ता सोंपयला; जाल्यार टीएमसी सर्तींत खूब फाटीं पडल्या. मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी प्रतिश्ठीत भवानीपूर मतदारसंघांत भाजपाच्या सुवेन्दु अधिकारी हांचे कडे 15 हजारां वयर मतांनी हारली. अधिकारी नंदीग्रामाची सुवातय जिखली.तमिळनाडूंत अभिनेतो-राजकारणी विजय हांच्या तमिळगा वेत्री कळगम (टीव्हीके) न इतिहास निर्माण केला.

पक्ष स्थापन जाले उपरांत जाल्ले पयले वेंचणुकेंत तो एकूच 108 जागे जिंकून व्हडलो पक्ष म्हणून उदेल. चेन्नयांतल्या कोलाथुर मतदारसंघांत एम. के. स्टॅलिन hanka चेन्नईतील कोलाथूर मतदारसंघात TVK चे उमेदवार व्ही. एस. बाबू यांच्याकड न सुमार ८,७०० मतांच्या फरकान पराभव स्वीकारचो पडलो. बंगालातल्या निकलाबद्द्ल उलयतना भारतीय जनता पक्षाचे राष्ट्रीय प्रवक्ते सुधांशु त्रिवेदी हानी म्हनले की बाइट

भाजपाचे वरिश्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी विधानसभा वेंचणुकेंत जैत मेळयल्ल्या अस्तंत बंगाल, आसाम, पुडुचेरी, तमिळनाडू आनी केरळांतल्या लोकांचे आनी पक्ष कार्यकर्तेचे उपकार मानल्यात. काल दिल्लींतल्या भाजपाच्या मुखेल कार्यालयांत पक्ष कार्यकर्त्यांक संबोधीत करतना मोदी हांणी सांगलें, की, हो दिस देशाखातीर एका नव्या पर्वाची नांदी आसा.

आसामांत सत्ताधारी भाजपा फुडारपणा खाला एनडीएन १२६ सदस्यांच्या विधानसभेत बहुमता खातीर आवश्यक chavsashtacho आंकडो हुंपून सलग तिसर इतिहासीक जैत मेळयलां. भाजपाक byayshi जागे मेळ्ळयात, जाल्यार इश्ट पक्ष आसाम गण परिशदेक 9 आनी बोडोलँड पीपल्स फ्रंटाक 10 जागे मेळ्ळयात.

केरळांत कॉँग्रेसीच्या फुडारपणाखाल युडीएफान निर्णायक जैत मेळयलां. कॉँग्रेसीक tresasht जागे मेळ्ळे, जाल्यार ताचो इश्ट पक्ष IUML'न 22 सुवाती जोडल्यात. cpm सोडल्यार सत्ताधारी युतींतले एकमेव पक्ष 'CPI' आनी RJD' हांकां सुवाती मेळपाक येस मेळयलां. तेच बरोबर udfचे चडशे सगळे वरिश्ठ फुडारी पुराय राज्यांत स्पश्ट भोव/मतान वेंचून आयल्यात.

पुडुचेरींत नॅशनल डेमोक्रेटिक आलायन्स (एनडीए) 30 वांगड्यांची विधानसभेंत 18 जाग्यांचें सहज भोवमत मेळोवन फुडलें सरकार स्थापन करपाक तयार आसा.

नायडू

आंध्र प्रदेशचे मुख्यमंत्री एन. चंद्रबाबू नायडू हांणी म्हणले की, ताज्या वेचणूकेत राष्ट्रीय लोकशाही आघाडीची  कामगिरी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाचेर लोकांचो वाढतो विश्वास दर्शयता. हे ट्रेंड एनडीएच्या विकासावेले लक्ष आणि 'विकसित भारत'च्या संकल्पनेक तेंको  दितात.  ही आघाडी लोकांच्या आकांक्षांचे प्रतिबिंब आसा आणि 'सबका साथ, सबका विकास, सबका विश्वास' या तत्वाचे पालन करता अशे तांणी म्हणले.या निकालां वेल्यान हे लेगीत दिसून येता की तरुण मतदार, विकास, आणि जनते कडे आशिल्या घट्ट नात्याक महत्त्व दितात. नायडू यांनी प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी, केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह, भाजपचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नवीन यांच्यासयत एनडीएचे पुडारी, पक्षाचे कार्यकर्ते आणि मतदारांचे अभिनंदन केले.

जितेंद्र 1

विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह यांनी सांगले की, गेल्या दशकात विज्ञान आणि तंत्रज्ञान विभाग (डीएसटी) न तंत्रज्ञान-आधारित नवोपक्रमाक प्रोत्साहन दिला. नवी दिल्लीत विज्ञान आणि तंत्रज्ञान विभागाच्या shappnaव्या स्थापना दिसानिमित्त आयोजित कार्यक्रमात उलयताना, सिंह यांनी विश्वास व्यक्त केला की, भारताची विज्ञान आणि तंत्रज्ञान परिसंस्था येत्या काय वर्षांत देशाच्या आर्थिक विकासाक आणि जागतिक फुडाराक आकार दिवपाक निर्णायक भूमिका निभायतले. तांणी म्हणाले की, गेल्या दसकात भारताच्या विज्ञान आणि तंत्रज्ञान क्षेत्रात निर्णायक परिवर्तन जाला, जाका अंतराळ आणि अणुऊर्जा यांसारखी क्षेत्रां खाजगी सहभागा खातीर उक्ती करपी धोरणात्मक निर्णयांचो तेंको आसा.

अंतराळ क्षेत्राच्या जलद विस्ताराचो संदर्भ दित डॉ. जितेंद्र सिंह हांणी म्हणाले की, हे क्षेत्र खाजगी कंपन्यां खातीर उक्ते केल्या उपरांत काय वर्षांतच, भारतात स्टार्टअप-चालित नवोपक्रमात व्हड वाढ दिसून येता, जातुन उपग्रह तंत्रज्ञानासारख्या क्षेत्रात नवीन क्षमता उदेता ज्याका लागुन आर्थिक वाढ आणि राष्ट्रीय सज्जता या दोगाकुय हातभार लागता. त्यांनी मुखार सांगले की, उदेत्या तंत्रज्ञान क्षेत्रांतय अशीच गती निर्माण जाता

जयशंकर

परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर यांनी आपली जमैकाची समपदस्थ कामिना जॉन्सन स्मिथ आनी त्या देशांतल्या हेर मंत्रीमंडळ वांगड्या वांगडा बसका घेतली. सोशल मिडियाचेर kelle पोस्टांत डॉ. जयशंकर यांनी नमूद केले की, या बसक velar त्यांनी भारत आणि जमैका यांच्यातील भागीदारीच्या विविध पैलूंचा आढावा घेतला तशेंच शिक्षण, भलायकी, शेतकी, डिजिटल पर्यटन, खेळ, मनरिजवण, मुळावी बांदावळ, क्षमता निर्माण आनी बहुपक्षीय प्रस्न ह्या मळार संबंद आनीक वाडोवपाचे मार्गांचेर चर्चा केली. डॉ जयशंकर हांणी जमैकाच्या उद्देग आनी वेवसायीक समाजाच्या फुडाऱ्यां कडेनय संवाद सादलो. संवसारांतले देश आपल्या वेपारांत विविधताय हाडटात आनी विस्वासांत घेवपा सारके भागीदार सोदतात तेन्ना भारत आनी जमैका हांचे मदीं वेवसायीक संबंद घटमूट करपाची गरज पयलीं परस चड गरजेची आसा अशें तांणी भर दिलो. तशेंच दोनूय देशां मदल्या अर्थीक सहकार्याची शक्यताय चड खरपणान सोदून काडपाची गरज आसा आनी हें फकत द्विपक्षीय नदरेन न्हय तर प्रादेशिक संभाव्यतायेचे नदरेनय म्हत्वाचें अशें तांणी नदरेक हाडलें;

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा.

Sports

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमांत मुंबय इंडियन्सान लखनौ सुपर जायंटसak 6 विकेटींनी हारयलो. ह्या जैताक लागून मुंबय इंडियन्स गुणतालिकेत सव्या क्रमांकाचेर पावल आनी सर्तीची आस्त जिवी दवरल्या. दुसरे वटेन 9 मॅचींनी फक्त 4 गूण मेळोवपी लखनौ सुपर जायंट आतां ‘प्ले ऑफ’ सर्तीतल्यान भायर सरपाच्या वाटेर आसा. आयज दिल्ली कॅपिटल्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स हांचे मदली मॅच दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर सांजवेळा 7:30 वरांचेर जातली.

Imd

भारतीय हवामान खात्यान दिल्ली, हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडात गडगड आनी पावसाचो अदमास उक्तायला.

- अस्तंत बंगाल आनी तमिळनाडूंतल्या विधानसभा वेंचणुकांनी दोन पावड्याचेर इतिहास घडयला

- भारताची विज्ञान आणि तंत्रज्ञान परिसंस्था येत्या काय वर्षांत देशाच्या आर्थिक विकासाक आणि जागतिक फुडाराक आकार दिवपाक निर्णायक भूमिका निभायतले अशे विज्ञान आणि तंत्रज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हानी म्हणला
- परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर यांनी  आपली जमैकाची समपदस्थ कामिना जॉन्सन स्मिथ आनी त्या देशांतल्या हेर मंत्रीमंडळ वांगड्या वांगडा बसका घेतली
- आयपीएल क्रिकेटांत आयज दिल्ली कॅपिटल्स आनी चेन्नई सुपर किंग्स हांचे मदली मॅच सांजवेळा 7:30 वरांचेर जातली.